04 .11.2025 6.30pm

**नानक जयंती राष्ट्राध्यक्ष**

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी गुरू नानक जयंतीच्या आदल्या दिसा सगल्या सहनागरिकांक परबीं दिल्यांत. अध्यक्ष मुर्मू हांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां, हो प्रसंग सगळ्यांक गुरू नानक देवाचे आदर्श आनी मुल्यां आपणावपाची प्रेरणा दिता आनी सगळ्यांक एक बरो समाज बांदपाचे दिकेन मार्गदर्शन करता.सत्य, न्याय, करुणेचेर आदारिल्लें जिवीत जगप हें येसस्वीपणाचे खरे माप अशें गुरू नानक जीचो संदेश शिकयता अशें तिणें सांगलें. तशेंच सगळ्यांक प्रामाणीकपणान जगपाची आनी हेरां कडेन साधनसुविधा वांटपाची प्रेरणा दिता.गुरू नानक देवाचे आदर्श आपल्या जिवितांत आत्मसात करून तांणी दाखयल्लो मार्ग आपणावून चड शांत आनी समृध्द राष्ट्र उबारपाक राष्ट्राध्यक्षान उलो मारला.

**प्रधानमंत्री**

बिहार विधानसभा वेंचणुकेंत एनडीएक व्हड जैत मेळटलें असो विस्वास भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला. मेरा बूथ सबसे माजबूट कार्यावळी खाला आयज बिहारांतल्या बायलां कडेन संवाद सादतना तांणी अशें सांगलें.तांणी म्हणलें, हे खेपे एनडीएचें जैत फाटल्या 20 वर्सांचो विक्रम मोडटलो अशें बिहारांतल्या लोकांनी थारायलां. फकत एनडीएच बिहाराची उदरगत करपाक शकता अशें तांणी स्पश्ट केलें.

**डॉ जितेंद्र सिंग**

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग फाल्यां नवी दिल्लींत देशभरांतली चवथी डिजिटल लायफ सर्टिफिकेट मोहीम सुरू करतले. मंत्रालयान सांगलें, म्हयनोभर चलपी ही मोहीम देशांतल्या दोन हजार पांचशें शिबिरांनी चलतली. फेस प्रमाणीकरण तंत्रगिन्यानाचो वापर करून पेन्शनरांक डिजिटल सशक्तीकरणाक चालना दिवपाचो हे मोहिमेचो हेतू आसा अशें तातूंत म्हणलां. सगळे पेन्शनर, खास करून जाण्टे पेन्शनर, विनाशिल डिजिटल मोडांत आपल्या सोयीन जिवीत प्रमाणपत्रां सादर करचे हे खातीर ही मोहीम घडोवन हाडल्या. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालय आनी भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन ॲथॉरिटी, म्हयनोभर चलपी हे मोहिमेक तंत्रीक आदार दितले.

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्ड (सेबी) पोरन्या स्टॉक ब्रोकर रेग्युलेशनांत व्यापक सुदारणा करून बाजारांतल्या मध्यस्थांचेर देखरेख खर करपा खातीर वावुरता. मल्टी कमोडिटी एक्सचेंजांत (एमसीएक्स) तंत्रीक व्यत्यय आयिल्ल्यान ही चाल जाल्या. आयज मुंबयंत जाल्ल्या कार्यावळींत मिडिया कडेन उलयतना सेबीचे अध्यक्ष

तुहिन कांट पांडे हांणी सांगलें, बाजारांतली लवचीकता वाडोवपा खातीर जोखीम वेवस्थापन, डेटा संरक्षण, पालन, गुंतवणूकदारांची तक्रार निवारण घटमूट करपाचेर नियामक लक्ष केंद्रीत करता. फाटल्या म्हयन्याच्या 28 तारखेक एमसीएक्सांत हालींच चार वरां वेपारांत व्यत्यय आयिल्ल्याचेर संबोधीत करतना श्री पांडे हांणी सांगलें, सविस्तर तपास आनी मुळाव्या कारणांचें विश्लेशण सुरू आसा. अशो घडणुको कितले वारंवार घडटात हाचेर तांणी हुस्को उक्तायलो.

**मानवतावादी मजत**

मेलिसा चक्रीवादळा उपरांत भारतान जमैका आनी क्यूबाक मानवतावादी मजत धाडल्या. आयज नवी दिल्लींतल्यान जमैका आनी क्युबाक दरेकीं सुमार 20 टन मानवतावादी मजत आनी आपत्ती मजत (एचएडीआर) म्हणून धाडल्यात. सोशल मिडिया पोस्टांत परराश्ट्र मंत्री डॉ.अशा सैमीक संकश्टां मुखार भारत आपल्या ग्लोबल साउथ भागीदारांक घेवन उबो आसा आनी आपल्या इश्टांक पुनर्बांदणी आनी पुनर्बांदणी खातीर मजत करतलो अशें तांणी सांगलें

**लश्करी मुखेली**

**भारतीय लश्करी मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांच्या विधानाक खोटें श्रेय दिवपी सोशल मिडियाचेर पातळिल्ल्या डिजिटल बदलिल्ल्या व्हिडियोक सरकारान खंडन केला.प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या फॅक्ट चेक युनिटान स्पश्ट केलां की, कृत्रिम बुद्धिमत्तेचो वापर करून सामुग्री डिजिटल रितीन बदलल्या आनी पाकिस्तानी प्रचार खात्यां वरवीं नियंत्रीत जाता.जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी अशें विधान करूंक ना अशें सांगून नागरिकांनी म्हायती खातीर फकत अधिकृत स्त्रोतांचेर आदारून रावपाचो उलो मारला.**

**ग्रेण्ड मास्टर**

गोंय राज्य हे फीडे सारख्या चॅम्पियनशिपीखातीर  अनुकुलवातावरण दिवपी सुवात अशे बुध्दीबळ खाळातले नामनेचे खेळगडी तशेंच ग्रेण्ड मास्टर विस्वनाथन आनंद हांण म्हणला    फीडे वल्ड कप  चॅम्पियनशिप वरवी घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. बुध्दीबळाचे लेव्हल आता वाडला. बुध्दीबळ खेळाची उमळशीक फकत  हो खेळ खेळप्यांमदीच न्ही जाल्यार  खेळ पळोप्यामंदी वाडील्लयाचे चित्र आता पलोवपाक मेळटा.. बुध्दीबळाच्या खेळाविंसी तांणी आपले अणभव हयावेळार व्यक्त केले.